# **आर्चबिशप फेर्राव हांणी राज्यपालांची भेट घेतली**

ता. 23 सप्टेंबर 2021

गोंयचें आर्चबिशप फिलिप नेरी फेर्राव हांणी आयज राजभवनार गोंयचें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची भेट घेतली.

बिशपान डायलिसीस दुयेंतींक आनी वृध्दाश्रमां, अनाथालयां आनी गरजू संस्थांक मजतीचो हात दिल्लेखातीर राज्यपालांची तोखणाय केली.

राज्यपालान हालीच डायलिसीस दुयेंतींक आनी कल्याणकारी संस्थांक अर्थीक मजत जाहीर केल्या. समाजातल्या वंचीत घटकांच्या सेवेखातीर राज्यप्रमुखान केल्ले हे खास प्रयत्न आसात, अशें बिशपान म्हणलें.

आर्चबिशप फिलिप नेरी फेर्राव हांणी राज्यपालांचे उपकार मानून गोंयच्या लोकांखातीर बरे काम करपाचे चालू दवरपाक आशिर्वाद दिले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/794

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji